पणजी regional 10 मार्च 2025

Cm रश्मि 80

मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी आयज  मंत्रालयात मुख्य सचीव, सचीव, तर आनी दक्षिण गोंय जिल्होअधीकारी तशेंच वेगवगळ्या खात्याच्या मुखेलीवांगडा कामकाजाचो नियाळ घेवपी बसका घेतली .

 वित्तीय वर्स 24-25 च्या अर्थसंकल्पीय निधीच्या उपयोगाचो  नियाळ आनी अर्थीक वर्साच्या निमाण्या म्हयन्यांत प्रलंबीत कामा बेगोबग निकालात  काडपाचो आदेश ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यान दीला.

तशेंच केंद्र सरकाराच्या  येवजण्यांचो लाव आनी राज्यांत चालीक लावप, नव्या केंद्रीय येवजण्यांची अंमलबजावणी करपाचो आदेश ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यान अधिकाऱ्यांक दीला.

हे शीवाय प्रशासकीय आॅनलायन सेवा,दयानंद सामिजीक सुरक्षा येवजण,लाडली लक्ष्मी, ग्रुह आधार, समाज कल्याण येवजण्यां विशीचो नियाळ मुखेलमंत्र्यान घेतलो. ग्रीन बजट,कोयर वेवस्थापन,

पर्यटन ,तशेंच सरकारान अर्थसंकल्प तयार करताना लोकांकडल्यान मागीयल्ल्या सुचवणेंचेर ह्यावेळार चर्चा जाली.

रश्मि कॉग्रेस 100

12 मार्चाक महात्मा गांधीन पुकारील्ल्या दांडी मार्चाक 95 वर्सा पुराय जातात.हे फांटभुयेर काॅग्रेस पक्षान राश्टीय पांवड्याचेर हो दीस मनवपाचो थारायला.गोयातुय हे फांटभुयेर गोय काॅग्रेसीन पोरण्या गोया रेलीचे आयोजन केला. पोरण्या गोंया गांधी सर्कल ते चर्च सर्कल मेरेन सकाळी 9.30 वराचेर ह्या रेलीचे आयोजन केला

अशी म्हायती कॉंग्रेस पक्षाच्या सेवा दलाचे मुखेली राजन घाटे हांणी दील्या.ते पणजे कॉंग्रेस हावसात घेतील्ल्या पत्रकार परीशदेवेळार उलयताले.

रेलीचे उक्तावण विरोधी पक्ष फुडारी यीरी आलेमाव तशेच कॉंग्रेस प्रदेश अध्यक्ष अमित पाटकार हांच्या हजेरीत जातले ह्या रेलीस कॉंग्रेसीचे कार्यकर्ते व्हडा आकड्यान हाजेरी लायतले अशी म्हायती घाटे हांणी दील्या.

दांडी मार्चाचे महत्व,ताचो इतीहास,गांधीजीची विचारसरणी आयच्या तरणाट्या पीळगेक कळची म्हण ह्या रेलीचे कॉंग्रेस पक्षान आयोजन केला.

सुभाष nep 100

राष्ट्रीय शिक्षण धोरणातली, तिगून उरपी उदरगतीची शिक्षणिक उद्दिष्टां साध्य करपाक शिक्षकांनी नेटान वावुरचें पडटले अशें पुणे भारती विद्यापिठाच्यो प्राचार्य डॉ. शमिता कुमार हांणी सांगले. परवरे राज्य शिक्षण आनी प्रशिक्षण संस्थेन माध्यमिक विद्यालयांच्या प्राचार्यां खातीर घडोवन हाडिल्ल्या कार्यशाळेच्या उक्तावण सत्रांत त्यो आयज उलयताल्यो. शिक्षणांची उद्दिष्टां फक्त म्हायती दिवपा इतलेंच मर्यादीत नासून विद्यार्थ्यांमदी परिवर्तन घडोवन हाडपाची तांक तांतूत आसपावता अशें तांणी सांगले. राज्य शिक्षण संचालक शैलेश झिंगडे , प्रकल्प समन्वयक गोविंदराज देसाई आनी एनसीईआरटी दिल्लीचे डॉ. पी.डी. सुभाष उक्तावण सुवाळ्याक माचयेर हजर आशिल्ले. या ४ दिसांचे कार्यशाळेत उच्च माध्यमिक विद्यालयांचे प्राचार्य, माध्यमिक शाळांचे मुख्याध्यापक, समग्र शिक्षा खात्याचे अधिकारी, आनी भाग शिक्षणाधिकारी वांटेकार जाल्यात.

प्रसाद विमेन

पणजेच्या हस्तकला, कापड आनी काथो संचालनालयांत बायलांचो दीस व्हडा उमेदीन मनयलो. ह्या कार्यक्रमांत हस्तकला संचालनालयाची संचालक संध्या कामत हांणी

दिवो पेटोवन कार्यावळीचें उक्तावण केलें.यावेलार उपसंचालक अमितेश शिरवईकर, अधिकारी लक्ष्मी लाड आणि हेर मान्यवर हाजिर आशील्ले. ह्या संदर्भार उलयतना संध्या कामत हांणी म्हणलें की, बायलां ही ह्या देशाची फाटीची कणो आनी फकत एक दीसच न्हय तर वर्सभर बायलांचो दीस मनवपाक जाय. फुडें उलयतना तानी बायला ही आपल्या घरांत घरकान्न, आपल्या वेवसायांत वेवसायीक, आनी आपल्या कामाच्या मळार अधिकारी आनी कामगार अशी जायत्यो भुमिका खूब जतनायेन करता. ह्या संदर्भार उलयतना तांणी बायलांनी फकत आत्मनिर्भर जावचें न्हय तर आपल्या भोंवतणच्या बायलांकय आत्मनिर्भर करचे अशेंय आवाहन केलें. बायलांच्या दिसा निमतान बायल कर्मचाऱ्यां खातीर उलोवपाची वकृत्व सर्त, प्रस्नमाची सर्त आनी हेर खेळ आनी सर्ती घडोवन हाडून बायलांचो दीस खोशीन मनयलो. ह्या कार्यालयांत बायलांचो दीस मनोवपा खातीर दादल्या कर्मचाऱ्यांनी बरो सहकार दिलो. सगल्या बायल कर्मचाऱ्यांक हातमाग शाल दिवन भोवमान केलो.

शिगमो सुशांत 180

मडगावात शिगमोत्सव उत्सवाची आयजसावन सुरुवात जाली. मडगावच्या पिंपळापेडार श्री दामोदराच्या पांयांर श्रीफळ आनी पगडी अर्पण करून मडगावात शिगमोत्सव उत्सवाचें उक्तावण जालें. ह्या संदर्भात मडगांव शिगमोत्सव समितीचे अध्यक्ष आनी मडगावचे आमदार दिगंबर कामत, आमदार उल्हास तुयेकार, भाजपाचो प्रदेश अध्यक्ष दामू नायक, नगराध्यक्ष दामोदर शिरोडकार, नगरसेवक, पदाधिकारी आनी समितीचे वांगडी हाजीर आशिल्ले. ह्या वेळार भटान देवाक गाऱ्हाणे घातले.

अंदूं मडगांवांतलो 38वो शिगमोत्सव आसून तो उमेदीन मनयतले अशें ह्यावेळार जाहीर केलें. ह्या वर्साच्या शिगमोत्सवांत वांटो घेवन तो येसस्वी करचो अशें आवाहन आमदार दिगंबर कामत हांणी सगळ्या मडगावातल्या लोकांक आवाहन केलें.

अंदूंचो शिगमोत्सव पारंपारीक पद्दतीन मनयतले अशें दामू नायक हांणी सांगलें. आमदार उल्हास तुयेकार हांणी आपले विचार मांडले. उपरांत सगले श्रीफळ आनी पगडी घेवन मडगाव शिगमोत्सव समितीच्या कार्यालयांत गेले, थंय श्रीफळ स्थापन केलो. सांजवेळार कार्यालयात श्री सत्यनारायण महापुजा जाली. नगरसेवक दामोदर वरक हो महापुजेचो यजमान आशिल्ले.

बुधवारा १२ मार्चाक राखणदाराक सुर रोंट घालून ह्या उत्सवाक खऱ्या अर्थान सुरुवात जातली. आयतारा, 16 मार्चाक चित्ररथ मिरवणूक जावपाची आसून त्यावेळार कनिश्ट आनी वरिश्ठ पंगडां खातीर वेशभूशा सर्त दनपारां 3 वरांचेर नगरपालिका चौकाचेर सुरू जातली, उपरांत होली स्पिरिट इगर्जेकडल्यान लोकनाच उपरांत रोमटांमेळ मंडळांची मिरवणूक सुरू जातली, आनी उपरांत चित्ररथांची मिरवणूक सुरू जातली अशी नगराध्यक्ष दामोदर शिरोडकार हांणी म्हायती दिली.

नगरपली सुशांत

कुंकळ्ळी नगरपालिका तसेच सां जुझे द आरियल आणि नेत्रावळी पंचायत ह्या तीन सुवातींनी घेतिल्ल्या पोट वेंचणुकांचे निकाल आयज जाहीर जाले.

कुंकळ्ळी पालिकेच्या प्रभाग दहा हांगा जाल्ल्या पोट वेंचणुकेत मारियानो सुवारिस हांणी प्रेमदीप देसाय हांचेर १४७ मतांनी जैत जोडले. सुवारिस हांका ४५३ तर देसाय हांकां २८५ मतां मेळ्ळी.

सां जुझे द आरियल ह्या पंचायतीच्या प्रभाग २ खातीर जाल्ल्या पोटवेंचणुकेत संदीप राय नायक हांणी यशवंत रायकार हांचेर ५५ मतांनी जैत जोडले. एकूण पाच उमेदवार रिंगणात आशिल्ले. नायक हांका १९७, रायकार हांकां १४२, कार्मिना

काऱ्व्हालो हांकां १०७, बेर्ता डिकॉस्ता हांकां ४८ जाल्यार मारियो कामोती हांकां ३५ मतां मेळ्ळी.

नेत्रावळीच्या प्रभाग ५ खातीर जाल्ल्या पोटवेंचणुकेंत प्रणिशा प्रदीप गावकार ह्यो बिनविरोध वेंचून आयल्यो.

गणेश स्मार्ट city

स्मार्ट सिटी खाला पणजी स्मार्ट सिटी लिमिटेड कंपनीक आतां मेरेन केंद्र सरकारा कडल्यान 441 कोटी रुपया मेळ्ळ्यांत. हातूंतले 411 कोटी रुपया खर्च जाल्यात. ही आंकडेवारी 4 मार्च 2025 मेरेनची आसा. केंद्रीय नगर विकास राज्यमंत्री तोखान साहू हांणी राज्यसभेंत दिल्ल्या लेखी जापांतल्यान ही म्हायती मेळ्ळ्या. खासदार सदानंद शेट तानावडे हांणी हे संबंदी अतारांकित प्रस्न उबो केल्लो.

जापेंत दिल्ले म्हायती प्रमाण, केंद्र सरकारा कडल्यान पणजी स्मार्ट सिटीक 51 प्रकल्पां खातीर 1051 कोटी रुपया मंजूर जाल्यात. तातूंतले 849 कोटी रुपयांचे 42 प्रकल्प पुराय जाल्यात. जाल्यार 202 कोटी रुपयांचें 9 प्रकल्पांचें काम सुरू आसा. वेगवेगळ्या राज्य सरकारांनी आनी केंद्रशासित प्रदेशांनी केल्ल्या विनंतींक लागून केंद्रान स्मार्ट सिटी प्रकल्पांची मुजत 31 मार्च 2025 मेरेन वाडयल्या.

पणजी स्मार्ट सिटीन दिल्ले म्हायती प्रमाण, प्रकल्प चालीक लावपा खातीर वेगवेगळ्या खात्यां कडल्यान मान्यताय मेळोवपाक जावपी कळाव, भूसंपादन, भूजल समस्या, हंगामी पावस, साधनसुविधा उपलब्धताय, बांदकाम सामानाची खरेदी अशी आव्हानां आशिल्ली. हे खातीर स्मार्ट सिटीन काम बेगीन करपा खातीर वेगवेगळीं पावलां उबारल्यांत, तातूंत अतिरिक्त मनीसबळ तैनात करप, तीन शिफ्टांनी काम करप, संबंदीत खात्या कडल्यान बारीक नदर दवरप हांचो आस्पाव आसा.

Rj महेश sir 80

आकाशवाणी पणजी तातपुरत्या कराराचेर कोंकणी निवेदक पदाखतीर पात्र उमेदवारांकडल्यान अर्ज

मागयता. शिक्षणीक पात्रताय :: पदवी मेरेनचें शिक्षण.

पिराय :: FM Rainbow खातीर 21 ते 40 वर्सा तशेंच कोंकणी वांगडा मराठी भाशेचें गिन्यान गरजेचें. अर्जा वांगडा शिक्षणीक दाखले तशेंच आधार कार्ड पॅन कार्ड आणी फोटो जोडचे.

कामाच्या दिसांनी 11 ते 1 वरां मजगती तुमचे पुराय भरिल्ले अर्ज घेवन येयात आकाशवाणी पणजी आल्तीन पणजे हांगा. अर्ज पावपाची निमणी तारीक :: 17 मार्च 2025 आसा. अर्जा वांगडा परीक्षे खातीरची फी भरची पडटली. हे जागे तातपुरत्या कराराचेरच आसात हे लक्षात घेवचे.

डाक Adalat 110

eksashtavya व्या प्रादेशिक पांवड्यावेली डाक अदालत 20 मार्च 2025 दिसा सकाळीं 11:00 वरांचेर पोस्टमास्टर जनरल, गोवा प्रदेश, पणजेच्या कार्यालयांत जातली.गोवा प्रदेशातलयो टपाल सेवां संबंधित कागाळी जयो ज्या सस सपत्कापरस चड काळ निराकरण जाय नसतन उरल्यात अशा कागलीनचे निराकरण करप या उपक्रमाचो उद्दिष्ट आसा,

डाक अदालत मेल, स्पीड पोस्ट, काउंटर सेवा, बचत बँको, आनी मनी ऑर्डर फारीक करूंक नाशिल्ल्या संबंदीत कागाळींचेर लक्ष केंद्रीत करतले. ह्या वाठारांनी समस्या अणभवल्या गिरायकांक तांची कागाळी डुप्लीकेट करून सहाय्यक संचालक टपाल सेवा-1, पोस्टमास्टर जनरल कार्यालय, गोवा प्रदेश, पणजी 403001 हांगा सादर करपाक मेळतले .ह्या कागाळींत ज्या अधिकाऱ्यांकडे मूळ कागाळ केल्ली तांचीं तारखां, नांवां, आनी पदनामां अशे विशिश्ट तपशील आसपावपाक जाय, तशेंच प्रस्नाचें थोडें वर्णन आसपावपाक जाय.

कागाळी सादर करपाची निमाणी तारीक 12 मार्च 2025.

प्रसाद पोंडा 180

फोंडाच्या क्रांती मैदानांचेर आदर्श सेवा फावंडेशनान फुकट एम्ब्युलन्स सेवा उक्तावण केली. ह्या काऱ्यक्रमांत मुखेल सोयरे म्हूण फोंडाचो आमदार आनी कृशी मंत्री रवी नायक, जाल्यार गोंय वैजकी म्हाविद्यालयाचे डॉ. उदय कुडालकर, डॉमानसी राणे,ममता खेडेकर, सुगंधा नरसुले, उदय सैल, संजय राणे, हरीश कामत, सदानंद नायक, प्रकाश सावंत आनी आदर्श सेवा फावंडेशनाचे आदर्श तोरास्कर हे मानेस्त हाजीर आशिल्ले. मोफत एम्ब्युलन्स सेवेचें उक्तावण मानेस्तांनी फित कापून आनी नाल्ल फोडून केलें. आदर्श तोरास्कर हे सदांच कुर्ती ,खांडेपार आनी फोंडा वाठारांतल्या बायलां खातीर समाजीक उपेगी कार्यावळी घडोवन हाडटात अशे मंत्री रवी नायकान ह्या प्रसंगाचेर उलोवपात सांगले. ह्या वेळार डॉ उदय कुडालकार आनी हेरांची भाशणां जाली. आपल्या फावंडेशनांतल्यान आतां मेरेन फोंडा आनी भोंवतणच्या वाठारांतल्या नागरिकां खातीर 75 परस चड भलायकी शिबिरां आनी 150 परस चड बायलां सशक्तीकरण कार्यावळी आयोजीत केल्यात अशें उलयतना आदर्श तोरास्कार हांणी सांगलें.